## राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक ईस्टराची परबीं

ता. 8 एप्रिल 2023

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी ईस्टराच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांक काळजासावन परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, संवसारभरांतल्या क्रिस्तांव भावां-भयणांखातीर ईस्टर हो एक म्हत्वाचो दीस आसा. ईस्टर हो पवित्र दीस, जो जेजू क्रिस्तान मानवतेखातीर केल्ल्या म्हान त्यागाचे प्रतिक जावन आसा. जेजू क्रिस्ताक खुरसार मारप आनी ताचे पुनर्जीवन जावप हे बऱ्या गुणांनी वायटाचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रकटीकरण आसा.

सध्याच्या काळांत धर्म, जात-पात भेदभाव करीनासतना सगळ्यांखातीर भोगसणे आनी भावपण हाचे परस शिकपासारखी दुसरी देख ना.

ह्या पवित्र आनी शुभ प्रसंगार आमी सगळ्यांनी शांतीकाय, सलोखो आनी भावपणाच्या आदर्श तत्वांक पाळो दिवया. ह्या वर्सा ईस्टराची परब लोकांमदी चड शांतीकाय, खुशालकाय आनी एकवट घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2023/321

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.